**मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर स्वातंत्र्य दीस सुवाळो**

**पर्यावरण मंत्र्याहस्तुकीं तिरंगो बावटो हुबयलो**

ता: 15 ऑगस्ट, 2024

मडगांवच्या माथानी साल्डाना प्रशासकीय संकुलांत आयोजीत जिल्हा पांवड्यावयल्या भारतीय स्वातंत्र्य दीन सुवाळ्यात पर्यावरण मंत्री श्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो.

ह्या वेळार उलयताना श्री सिक्वेरा हांणी जनतेक स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटयली आनी विद्यार्थी समाजान ड्रग्स आनी हेर वायट व्यसना पासून पयस रावन आपल्या शिक्षणात प्राविण्य मेळोवन समाजाक अभिमान मेळोवन दिवपाचो उलो मारलो.

फुडें उलयतना श्री. सिक्वेरा हांणी स्वातंत्र्य दीस हो न्हय फकत एक प्रसंग जाल्यार तो आमच्या संस्कृतीत रूजलेलो लोकशाय, एकात्मता आनी अखंडतायेचो सुवाळो जावन आसा, अशें सांगलें. ह्या दिसा देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर बलिदान दिल्ल्या फुडाऱ्यांचो आनी स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करून तांकां नमन करतात. तशेंच देशान केल्ल्या प्रगतीचो नियाळ करतात, अशें तांणी सांगलें.

मनशाच्या निरोगी जीणेखातीर पर्यावरण म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगून पर्यावरणाचो सांबाळ करप आपले कर्तव्य आसा, अशें तांणी सांगलें. तशेंच तांणी समजात समानताय, एकजूट आनी सलोखो राखपाची गरज उक्तायली. केंद्रात प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी आनी गोंय राज्यांत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला सरकार देश आनी राज्याच्या उदरगती खातीर नेटान प्रयत्न करतात, अशेंय श्री. सिक्वेरा हांणी सांगलें.

ह्या वेळार मडगाव परिसरातल्या शाळांच्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्ती गीतांचो कार्यक्रम सादर केलो.

आमदार श्री. उल्हास तुयेंकर, आदले राज्यसभा खासदार श्री. विनय तेंडुळकर, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अश्विन चंद्रू , दक्षीण गोंय पुलीस अधिक्षक श्रीमती सुनिता सावंत, आनी हेर वरिश्ठ अधिकारी, विद्यार्थी आनी नागरीक सुवाळ्याक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/412

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.